**Panaji National 31 July 2026 6:30 pm**

**संसद**

नीट प्रस्नाचेर विद्यार्थ्यांनी केल्ल्या निदर्शनां वेळार पुलिसांनी केल्ल्या कारवायेक लागून विरोधकांनी निशेद केलो. त्या उपरांत संसदेचे दोनूय सभाघर दिसा खातीर स्थगीत केल्ले. लोकसभेंत बोवाळ जाल्ल्यान जल्म आनी मरण नोंदणी विधेयक, 2026 चर्चा करिनासतना संमत जालें. ह्या विधेयकाक लागून जल्म आनी मरणाची कळाव जाल्ली नोंदणी विषयीचे कायदे चड कडक जाल्यात.  विरोधकांनी हे चर्चेंत वांटो घेवंक नाशिल्ल्यान संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी टिका केली. 3 ऑगस्टाक लोकसभा आनी राज्यसभेचि परतून बसका जातली.

**Jantar mantar**

20 जुलयाक जंतर मंतर हांगासर जाल्ल्या निशेधा वेळार जखमी जाल्ल्या दिल्ली पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या कुटुंबांतल्या लोकांनी निदर्शना वेळार पुलीस अधिकाऱ्यांक मुद्दाम निशाणें केल्ल्याचो आरोप केला.

तशेंच ह्या घडणुके वेळार जायत्या पुलीस कर्मचाऱ्यांक गंभीर दुखापत जाल्ल्याचो कुटुंबांतल्या लोकांनी दावो केला.

**Ethanol Programme**

इथेनॉल कार्यावळीचो अन्न सुरक्षेचेर परिणाम जायना अशें सरकारान स्पश्ट केलां इथेनॉल मिश्रित पेट्रोल अन्न सुरक्षे कडेन तडजोड करिना आनी उर्जा सुरक्षा वाडोवप, कच्च्या तेलाची आयात उणी करप आनी शेतकारांची येणावळ वाडोवप हो ताचो हेतू आसा अशें सरकारान स्पश्ट केलां. भौशीक वितरण पद्दत, राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा कायदो, कल्याणकारी येवजण्यो आनी सत्तीचो बफर स्टॉक हांचे खाला सगळ्यो गरजो पुराय केल्या उपरांतच भारतीय अन्न म्हामंडळांतल्यान तांदूळ इथेनॉल उत्पादना खातीर वांटतात आनी फकत अन्न आनी भौशीक वितरण खात्यान प्रमाणीत केल्ल्या अतिरिक्त स्टॉकांचोच वापर करतात अशें पेट्रोलियम मंत्रालयान सांगलें.

केंद्रीय मंत्रीमंडळान उर्जा सांठोवपाच्या पद्दतीन फ्लोटिंग सोलार फोटो वॉलटिक प्रकल्पांच्या विकासा खातीर प्रधानमंत्री सूर्य सरोवर येवजणेक मान्यताय दिल्या. वट्ट 5 हजार 70 कोटी रुपया खर्च करून हे येवजणेक मान्यताय दिल्या अशे आयज प्रसार माध्यमांकडेन उलोयतान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलें.

हे येवजणेचो काळ पांच वर्सांचो आसतलो. ह्या प्रकल्पाखातीर अतिरिक्त भूंय संपादन करपाची गरज ना जाल्यार विद्यमान जलाशय, कालवे आनी उद्देगीक तळ्यांचो फावो सारखो वापर करपाची संद निर्माण जातली अशें वैष्णव हाणी फुडे म्हणला.

**Khelo india**

केंद्रीय मंत्रीमंडळान विस्तारीत खेलो इंडिया येवजणेक मान्यताय दिल्या, आनी राष्ट्रीय खेळ महासंघांक छत्तीस हजार चारशे कोटी रुपया परस चड खर्च करून 2026-27 ते 2030-31 वरसाखातीर आदार वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. तशेंच मंत्रीमंडळान नॅशनल ऑफशोर क्सप्लोरेशन स्कीम, समुद्र मंथनाक , चवऱ्यायशी हजार कोटी रुपया पर्स चड खर्च करून वर्स 2030-31 मेरेन मान्यताय दिली. ह्या उपक्रमांक लागून खेळांची मुळावी बांदावळ घटमूट जातली आनी देशभर दर्यादेगेवेल्या उर्जेच्या सोदाक चालना मेळटली अशे म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णवान हाणी सांगलें.

**खेळ**

1. पांच फावटीं फिफा विश्वचषक चॅम्पियन जाल्लो ब्राझील कोलकाता हांगा भारतीय फुटबॉल पंगडा आड आंतरराष्ट्रीय friendly  सरती खेळटलो. ही सर्त  3 ऑक्टोबराक सॉल्ट लेक स्टेडियमांत जावपाची आसा. काल अखिल भारतीय फुटबॉल संघटणेन ही घोशणा केल्या.
2. ड्यूरंद कपाची एकशे पस्तिसावी आवृत्ती आयज शिलॉंगांत सुरू जाली. जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत ई गट  सरतींचे आयोजन केल्ले.

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरात आनी मध्य महाराष्ट्रांत मुसळधार पावसाचो अदमास सांगून रेड अलर्ट जारी केला. फुडल्या तीन दिसांनी ईशान्य भारत, पंजाब, कोकण, गोंय, ओडिशा, तेलंगणा, मध्य प्रदेश, राजस्थान ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, झारखंड, लक्षद्वीप, तेलंगणा, विदर्भ आनी अस्तंत मध्य प्रदेशांत दिसाक जोगला सयत वादळी वारें व्हांवपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.